# Akashvani Panaji Goa Regional Bulletin 7.25am 10.04.24

**इन्डीया गोवा बसका १३५**

इन्डिया आघाडी घटक पक्षांची म्हत्वाची रणनीतीक बसका काल सांजे पणजे शारांत एका हॉटेलांत जाली. हे बसकेत वेचणूक प्रचाराचे रणनितीचेर चर्चा जाली आनी घटकपक्षांनी जबाबदारी वांटून घेतली. बसकेत काँग्रेस, गोवा फॉरवर्डाचे दुर्गादास कामतै, आपाचे अमित पालेकार, राष्ट्रवादी काँग्रेस पवार गटाचे जुझे फिलिप डिसोझ आनी शिवसेना उद्दव ठाकरे गट हांचे फुडारी वांटेकार जाल्ले. काँग्रेस पक्षान वेंचणूकेंत देवयिल्ल्या उमेदवारांक आघाडी पक्षांनी मोठी उमेद आनी उत्साहान सक्रिय तेंको दिला आनी तांचे प्रचाराखातीर सगले एकठांय वावूरतले, अशें काँग्रेसीचे प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकर हाणीं बसके उपरांत खबराकारांकडेन उलयतना सांगलें. सकाळीं इन्डिया आघाडी उमेदवारांच्या जाहीर प्रचाराचो नाल्ल फोडल्या उपरांत सांजे ही बसका जाली. काँग्रेसीच्या उमेदवारांक सगल्या थरांतल्यान बरो प्रतिसाद ळटा. ताकालागून भाजपा भिला, अशें आपाचे अमित पालेकार बसके उपरांत खबराकारांकडेन उलयले. गोंयांत तिसऱ्या पांवड्यांत 7 मे दिसा लोकसभेखातीर मतदान जातलें. दोनूय मतदारसंघांनी सध्यामेरेन भाजपा, काँग्रेस आनी आरजी पक्ष अशी तिरंगी लढत दिसता.

**कॉग्रेस प्रचार १६०**

गुढीपाडव्याच्या शुभम्हूर्तार कॉग्रेस पक्षान कालसावन आपलो जाहीर प्रचार उमेदवारांक घेवन सुरु केलो. उत्तर गोयांत पत्रादेवी सुटके झुंजाऱ्यांचे स्मारकाकडच्यान, जाल्यार दक्षिणेत लोहिया मैदानाकडच्यान प्रचार सुरु जालो. पत्रादेवी आनी लोहिया मैदानाचेर फुडाऱ्यांनी हुतात्म्यांक आर्गा ओपर्ली. इन्डिया आघाडीचे फुडारी दोनूय सुवातांनी एकठांय दिसले. उत्तरेंत ॲडव्होकेट रमाकांत खलप, जाल्यार दक्षिण गोंयांत कॅप्टन विरीयातो हांचे प्रचारसभेन प्रचाराक सुरवात केली. इन्डीया आघाडीच्या घटकपक्षांचे फुडारीय सभेक हाजीर आशिल्ले. उत्तरेंत पांच खेपेचे खासदार आनी केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांचे कामगिरीक कॉग्रेस पक्षान आव्हान दिला. श्रीपाद नायक पांच खेपे खासदार जावनूय गाँयच्या प्रस्नांक केंद्रांत आनी संवसदैत वाचा फोडपाक तांकां अपेस आयलां. कॉग्रेस पक्षाचे खासदार गॉयचे प्रस्न संवसदेत व्हरून तड लावपाचो यत्न करतले, असो विस्वास फुडाऱ्यांनी लोहिया मैदानाचेर सभेत उक्तायलो. भाजपाक हरयतले जाल्यार विरोधकांचो एकचार जाय. मतविभागणी जावची न्ही म्हूण आरजी पक्षान आपले उमेदवार फाटी घेवन इंडिया आघाडीक तेंको दिवचो, असो उलो, दक्षिणेचे उमेदवार कॅप्टन विरियातो हाणीं मारला. उमेदवार जाहीर जावंक कळाव जालो तरी इन्डिया आघाडीचे घटकपक्ष पुराय शक्त लावन कॉग्रेसीच्या उमेदवारांक जैतिवंत करतले. असो संकल्प इन्डीया आघाडीन केलो.

**गुढीपाडवो ११५**

हिंदूंचे नवें वर्स, गुढीपाडव्याचो म्हूर्त कालच्या दिसा अख्ख्या संवसाराबरोबर गाँयांतूय मोठो उत्साह आनी भक्तिभावान मनयलो. घरां-दारांनी तोरण, रांगोळ्यो, फुलां-खण-कडुनिंब आनी तांब्याच्यो सकाळी गुढयो उभारल्यो. सकाळी शारां शारांनी प्रभातफेरी जाल्यो. हिंदूंनी एकामेकाक नव्या वर्साची परबी भेटयलीं. नवें घर, गाडी, भांगर उद्देग-वेवसाय करूंक गुढीपाढव्याचो म्हूर्त शुभ. ह्या म्हूर्तार खरेदीकूय उत्साह दिसलो. फोण्यां हिंदू सांस्कृतिक न्यासान फोंड्यां क्रांती मैदानार गुढी पाडव्या निमतान नवे वर्साचे येवकाराक कार्यावळ घडोवन हाडली. सकाळी स वरांचेर शारांतल्यान मंगलयात्रा काडली. मुखेल सोयरे आनी उलोवपी म्हण सचिन मदगे, शिल्पकार आणि इतिहास तज्ञ, पदमश्री संजय पाटील सुवाळ्याक आशिल्ले. सकाळी सातांक क्रान्ती मैदानाचेर मानेस्तांनी गुढी

उबारली आनी नवे दिनदर्शिकेचे विमोचन कलें. पणजे आनी म्हापशांय वेगवेगळ्यो धर्मिक, आध्यात्मिक संस्था आनी संघटनांच्यो सकाळी प्रभातफेरी जाल्यो. मानेस्तांचे मार्गदर्शनाचे कार्यक्रम जाले.

**नवें वर्स सीएम ८०**

वाडट्या अपघातांवेल्यान मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणीं तरणाट्यांचे जीणेशैलिविशीं हुस्को उक्तायला. गुढी पाडव्याक हिंदूंचे नवें वर्स. खुपश्याजाणांक खबरूच ना. हे दुर्दैव. १ जानेराक नर्वे वर्स म्हूण ३१ डिसेंबराक अशे वागतात, की परत आनी नवें वर्स येवचेच ना. कांयजाणांचे (गयबी-ना. मुख्यमंत्र्यांनी सांखळे संवसार पाडव्याचे कार्यावळीक गेल्लेकडेन वाडट्या ॲक्सिडॅन्टांचे फाटभुयेर हुस्को उलयलो. नव्या वर्साक नवो संकल्प. सगल्यांनी सुसंस्कार सु- आरोग्याची गुढी उभारुया, असो उलो मुखेलमंत्र्यांनी नवे वर्साचे येवकार सुवाळ्यांत मारलो. सांखळे बाजारांत गुढी उभारून पुजा केली. बाजारांतल्यान गोकुळवाडीमेरेन शोभायात्रा काडली. राधाकृष्ण मुरलीधर संस्थानांत कार्यावळ जाली.

**आरजी प्रचार १३०**

आरजी पक्षाच्या दुसऱ्या पांवड्यावेल्या प्रचाराक माशेलांतल्यान सुरवात जाल्या. लोकांचों बरे पैकी प्रतिसाद मेळटा, असो दावो आरजी पक्षाच्या फुडाऱ्यांनी केला. काल प्रचारांत उत्तरेचे आरजीचे उमेदवार फुडारी मनोज परब आनी आमदार विरेश परब वांटेकार आशिल्ले. लोकांच्या घरां घरांनी आरजी पक्षाचो जाहीरनामी पावला. आरजीची पयल्या पांवड्यावेली प्रचार पुराय जाला. आतां दुसरो पांवडो सुरु जाला, अशें मनोज परब हाणी सांगलें. कॉंग्रेस आनी भाजपाच्या खासदारांनी दिल्ली वचून आजमेरेन फक्त बघ्याची भूमीका घेतल्या. गाँयच्या प्रस्नांक आवाज फोडीनात. गाँयाक तरणाटे, नवे उमेदीचे खासदार जाय. गॉयच्या प्रस्नांचेर फक्त थळावो पक्ष आरजीच संवसदेत आवाज काडपाक शकता. अशें मनोज परब हाणीं सांगलें. भाजपा आनी कॉंग्रेस हे एकामेकाचे साथीदार, अशी टीका परब हाणी केली. प्रादेशीक आरजी पक्षाक उणे लेखपी कॉंग्रेसीचे उमेदवार रमाकांत खलप आनी विरियातो हाणीं इन्डिया अलायन्सांत ३७ प्रादेशीक पक्ष आसात हे लक्षांत दवरचे, अशी शिटकावणीय परब हाणर्णी दिली.

**वॅन्झी नोटीस ६५**

दक्षिण गोंयच्या वेचणूक अधिकाऱ्यांनी आम आदमी पक्षाचे आमदार वेंन्झी विएगश हांकां आचार संहिता मोडली म्हूण कारणां दाखय नोटिस ज्यारी केल्या. आपूण उमेदवार न्ही. तशेंच लावड स्पीकर घेवन आपणे खंयचीच जाहीर सभाय घेतिल्ली ना. वैचणूक अधिकाऱ्यान वगीच (भापल्याक नोटिस काडल्या, असो दावो आमदार वेन्झी हाणर्णी केला. सरकारपक्षाच्या फुडाऱ्यांनी आचारसंहिता मोडल्यार तांकां कोण विचारीना. विरोधकांचे प्रचारांत आडमेळी हाडूंक पुलीस आनी स्कॉड नेमको पावता, असो दावो वेन्झी हार्णी केला.